# पत्रादेवीच्या स्वातंत्र्य दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर कदंब बसीची वेवस्था

ता. 13 ऑगस्ट 2025

स्वातंत्र्य सैनिकांक 15 ऑगस्ट दिसा पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन आयोजीत स्वातंत्र्य दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक मेळचे म्हूण गृह खात्यान स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर पोरणे सचिवालय, पणजी ते पत्रादेवी आनी परत अशी एका एअर कंडिशन ईव्ही कदंब बसीची वेवस्था केल्या.

जीए-07- टी-2900 ह्या नंबराची कदंब बस सकाळी 10.00 वरां पयली पोरणे सचिवालय, पणजी हांगा पार्क केल्ली आसतली. श्री. शिवम रामजी ( मो. नं. 9284963279) हे बसीचे ड्रायव्हर आसात. पत्रादेवीचो कार्यक्रम सकाळी 11.30 वरांचेर जातलो. कार्यक्रम सोपले उपरांत स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन बस परत पणजे येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/686

--

----------------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.